**जानेवारी 2024 खातीर राशन कोटा**

पणजीः 20 डिसेंबर 2023

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो, 2013 अंत्योदय अन्न येवजण आनी प्राधान्य कुटुंब (एएव्हाय आनी पीएचएच) (फोर्टिफायड तांदूळ), (एपीएल) (फोर्टिफायड तांदूळ) (नेमान), गंव आनी कल्याण संस्था येवजण (फोर्टिफायड तांदूळ) अंतर्गत जानेवारी 2024 म्हयन्या खातीर राशन कोटा दिला.

दर कार्डा फाटल्यान अंत्योदय अन्न येवजणे अंतर्गत (एएवाय) 35.00 किलो फुकट फोर्टिफायड तांदूळ मेळटले. प्राधान्य कुटुंबा (पीएचएच) खातीर दरेक लाभार्थ्याक 5.00 किलो फुकट फोर्टिफायड तांदूळ मेळटले. गरिबी रेशे वयर आशिल्ल्या खातीर (एपीएल) (फोर्टिफायड तांदूळ) 12.50 रुपया दर कार्डा फाटल्यान 10.00 किलो फोर्टिफायड तांदूळ मेळटले. गरिबी रेशे वयर आशिल्ल्या खातीर(एपीएल) 10.00 रुपया दर कार्डा फाटल्यान 5.00 किलो गंव मेळटले. कल्याण संस्था येवजणे अंतर्गत दर कैद्यांक 6.15 रुपया 15 किलो फोर्टिफायड तांदूळ मेळटले आनी कल्याण संस्था येवजणे अंतर्गत दर कैद्याक 4.80 रुपया खर्च करून 15 किलो गंव एकतर तांदूळ/गंव मेळटले.

सगळ्या रास्त भाव दुकानां विक्रेत्यांक कळयला की तांच्यानी कोटा व्हरपाची प्रक्रिया बेगोबेग सुरू करची आनी तांच्यांनी 31 डिसेंबर 2023 मेरेन वा ताचे पयलीं जारी केल्लो कोटा व्हरचोच पडटलो आनी ते खातीर कसलीच मुदतवाढ जावची ना. शिधापत्रिकाधारकांक तांच्या संबंदीत रास्त भाव दुकानांतल्यान जानेवारी 2024 खातीर हक्काचे पात्र आसप आवश्यक आसा.

रास्त मोलाच्या दुकानांनी गिरायकाच्या माहिती खातीर स्टॉकाचो तपशील तशेंच धान्याचो नमुनो दर्जो दाखोवप गरजेचें आसा आनी सगळे कार्डधारक/गिरायकांनी आपली कागाळ आसल्यार पेडणें/बार्देश/दिवचल/सत्तरी/साश्टी/मुरगांव/केपें/सांगें आनी काणकोण तालुको वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खातें, जुंन्ता हावस,पणजी-गोंय संबंदीत नागरी पुरवण निरिक्षकांक दिवपाची विनंती करता.

खात्याचो हॅल्पलायन क्रमांक 1967, 18002330022 आनी दर तालुक्याचे संपर्क क्रमांकः पेडणें - 2201700, बार्देश- 2266720, तिसवाडी - 2220225, दिवचल - 2360500, सत्तरी - 2374900, फोंडें - 2319341, साश्टी - 2725099, मुरगांव - 2500550, केपें - 2662500, काणकोण-2644425, 2604090, 264425, सांगें- 264425.

डीआय/एनबी/पीएन/एसएफ/यूएच/2023/

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.